**<u>ऑगस्ट  म्हयन्या खातीर रेशन कोटा</u>**

ता. 19 जुलय 2022

ऑगस्ट  म्हयन्या खातीर अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक 3 रूपया दरान 35 किलो तांदुळ दितले. अंत्योदय अन्न येवजण- प्रधानमंत्री गरीब कल्याण येवजणेच्या रेशन कार्डधारकांक मनशाफाटल्यान 5 किलो तांदूळ फुकट दितले.

प्राधान्यक्रम कुटुंबांक 3 रूपया दरान लावधारका फाटल्यान 5 किलो तांदुळ दितले. प्राधान्यक्रम कुटुंब- प्रधानमंत्री गरीब कल्याण येवजणेच्या रेशन कार्डधारकांक मनशाफाटल्यान 5 किलो तांदूळ फुकट दितले.

एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान प्रती कार्ड 9 किलो तांदुळ आनी 10 रूपया दरान 5 किलो गंव दितले.

कल्याणकारी संस्थां येवजण कार्डधारकांक तांदुळ 6.15 रूपया दरान आनी गंव 4.80 रूपया दरान वितरीत करतले.

सवाय धान्य दुकान मालकांनी 30 जुलय 2022 मेरेन आपलो धान्य कोटा व्हरून रेशन कार्डधारकांक वितरीत करचो. रेशन कार्डधारकांनी आपलो रेशन कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानातल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार रेशन कार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/472

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji